# आयबीएम गुप्तताय विधान

हें गुप्तताय विधान 26 ऑगस्ट 2025 सावन अंमलांत आयलां

आमकां संपर्क करचो →



## हें गुप्तताय विधान अद्यावत केलां

आदलें संस्करण →

# परिचय

तुमचे गुप्ततायेक आमी आयबीएमांत मान दितात आनी तुमची वैयक्तीक माहितीची माहितीजबाबदारपणान संरक्षीत करूंक आनी प्रक्रमण करूंक वचनबद्ध आसात.

ह्या आयबीएम गुप्तताय विधानांत, आयबीएमाचे जाचे कडेन वेवसायीक संबंद आसात, तांचे कडेन आयबीएम कशे तरेन आपल्या ग्राहकांची, वेवसायीक भागीदार, पुरवणदार आनी हेर संघटणांनी ग्राहक आनी हेर व्यक्तीं विशीं वैयक्तीक माहिती कशे तरेन एकठांय करता, वापरता आनी वांटणी करता हाचें वर्णन करता. उप-कम्पनी जेन्ना आयएमबी च्या संदर्भा बगर आपलीं स्वताचीं अशीं विधानां सादर करता, तेन्ना हें एक सोडल्यार हें आयबीएम कॉर्पोरेशन आनी आयबीएम उप-कम्पनीक लागू जाता.

आमी जंय ग्राहकाक वेवसायांत उत्पाद, सेवा वा एप्लिकेशनां उपलब्ध करून दितात, तेन्ना हें सगळें वापरतना वैयक्तीक माहिती एकठांय करूंक आनी वापरूंक ग्राहकूच जापसालदार आसता. हेर तरेन वर्णन केल्लें नासल्यार, ही एकठावणी आनी ताचो वापर ग्राहकांच्या गुप्तताय धोरणांत आसपाविल्लो आसा.. आमी ग्राहका कडेन केल्लो करार आमकां, कंत्राट वेवस्थापनाच्या कारणां खातीरखातीर उत्पाद, सेवा वा एप्लिकेशनांच्या अधिकृत वापरप्यां कडेन आमकां मागणी करून माहिती एकठांय करूंक मेकळीक दिवंक शकता. ह्या प्रकरणांत, हें गुप्तताय विधान, वा पूरक गुप्तताय कळोवणी, लागू जाता.

आमी पूरक गुप्तताय कळोवणी वापरून घडये अतिरिक्त डेटा गुप्तताय माहितीची पुरवण करूंक शकतात.

---

# आमी वैयक्तीक माहिती एकठांय करतात आनी वापरतात

हो विभाग आमी, वेगवेगळ्या प्रकाराची माहिती एकठांय करतात आनी कशे तरेन आमी वापरतात, हाचें वर्णन करता.

हातूंततुमचें खातें, आयबीएम वॅबसायटी, आयबीएम एप्लिकेशनां, Cloud आनी ऑनलायन सेवा, बाजारणी कंत्राटी वेव्हार,सहाय्य सेवा, तुमची आनी आयबीएमाचें संरक्षण आयबीएमाचीं ठिकाणां, कंत्राटी वेव्हार, सहाय्य सेवा, आनी भुरगीं, आयबीएमाचीं ठिकाणां, भरती करप आनी आदले कर्मचारी, आमच्या वेवसायाचें संचालन करप, कुकीज एण्ड सिमिलर टॅक्नॉलॉजीस, ४९° भुरगीं हाचे विशीं माहिती आसपावता.

जी माहिती आमी एकठांय करतात आनी वापरता तातूंत घडये प्रोफायल माहिती, वॅबपानां वयलो संवाद, बाजारणीबाजारणी प्राधान्य, दुर्भावनायुक्त कृतींची तपासणी करूंक माहिती, आमचे कडेन सहाय्या खातीरतुमच्या संभाशणाचें रॅकॉर्डिंग्स वा ट्रान्सक्रिप्ट्स , आमच्या वेवसायीक संचालनांत सुदारणां करूंक माहिती, आनी हेरांचो आसपाव आसा.

---

### तुमचें खातें

तुमी IBM हातूंत तूमची IBMid तयार करून खातें उक्तें करपाक शकता. IBMid हे तुमचें नांव, ईमेल नामो, टपाल नामो आनी तुमी दिवपाक शकतात ती संबंदीत म्हायती IBM पुरवण करता. आमकां घडये विशिश्ट सेवां खातीरखातीर, देखीक आयबीएम एप्लिकेशनां, Cloud आनी ऑनलायन सेवां खातीर IBMid आवश्यक आसतली. खातीर.

तुमी आमकां पुरवण केल्ल्या वेवसाय संपर्क माहितींतल्यान वा तुमची संघटणा, आमचे वेवसाय भागीदार वा आमचे पुरवणकर्त्यां कडल्यान आमी एकठांय केल्ले वेवसाय संपर्क माहितींतल्यान तुमचे तपशील आमी घडये सांठोवंक शकतात.

चड जाणून घेवचें

तुमी जेन्ना आमच्यो वॅबसायटी एक्सॅस करतात, मागणी वा ऑर्डर करतात, वा आमचो उत्पाद वा सेवा वापरतात, तेन्ना IBMid तुमची अद्वितीयपणान तुमचे वळख पटयता. तुमी जेन्ना IBMid वरवीं आमचे वॅबसायटींत लॉग इन करतात तेन्ना तुमच्या खात्या कडल्यान एकठांय केल्ली माहिती घडये लिंक करूंक शकतात. तुमकां आयबीएम एप्लिकेशनां, Cloud आनी ऑनलायन सेवांक एक्सॅस दिवंक आनी तुमचो कंत्राट आनी बिलींग इतिहास हाताळूंक मेकळीक दिवंक, IBMid वापरतात तुमी वर्गणी केल्ल्या खंयच्याय सेवांच्या संदर्भांत तुमकां संपर्क करूंक, घडये तुमच्या IBMid आशिल्लो ईमेल नामो वापरूंक शकतात.

वेवसाय संपर्क माहिती सामान्यत अशी माहिती आसता जी तुमकां वेवसाय कार्डाचेर मेळटली, जशें नांव आनी वेवसाय संपर्क तपशील. आमी हे माहितीचो वापर वेवसायीक गजालीं विशीं तुमचे कडेन संपर्क सादपा खातीर वा संवाद सादपा खातीर करतात. आमंकां जरी आयबीएम वेवसाय भागीदार वा पुरवणदार सारक्या तिसऱ्या पक्षा कडल्यान वेवसाय संपर्क माहिती मेळ्ळ्यार, आमी ती माहिती योग्य रितीन वांटणी केल्या हाची पुश्टी करतले.

तुमचें वेवसायीक शिक्षण, कौशल्यां, कामाचो अणभव वा वेवसाया संबंदीत ब्लॉग्स, प्रकाशनां, नोकरेची भुमिका आनी प्रमाणपत्रां सारक्या हेर भौशीक रितीन उपलब्ध आशिल्ले माहिती सारकी हेर वेवसायीक संबंदीत माहिती सयत तुमच्या वेवसायाची संपर्क माहिती लेगीत एकठांय करूंक शकतात. हे माहितीचो वापर घडये आयबीएमाच्या वेवसायाच्या खंयच्याय भागांत तुमचे कडेन आमच्या परस्पर संवादा खातीर करूंक शकतात, देखीक विक्री प्रक्रिया, तुमचे कडेन संबंद दवरपा खातीर, आनी करारा उपरांतच्या संबंदां खातीर वापरूंक शकतात.

जर तुमचें खातें संघटणेच्या मालकीचो डोमेन आशिल्लो ईमेल नामो वापरून तयार केल्लो आसत जाल्यार, जाचे कडेन तुमी काम करतात, ताचे कडेन करार करतात वा स्वयंसेवक आसात, तुमची संघटणा करपाक शकता:

- तुमच्या खात्याची स्थिती विशीं चवकशी करात,
- तुमच्या खात्याच्या मांडावळींची विनंती करात (तुमची वैयक्तीक म्हायती सयत), आनी,
- ताच्या पर्यायाचेर, ताचें रुपांतर एंटरप्रायझ ID करचें.

तुमचें खातें जर एंटरप्रायझ ID म्हूण तयार केल्लें, वा रुपांतरीत केलां जाल्यार, तुमची संघटना तुमच्या खात्याची म्हायती हाताळटा. तशेंच तुमच्या ID खातीर प्रमाणीकरण करपी एजन्सी आसा, म्हळ्यार तुमचो प्रवेश तुमच्या संघटणेचे लॉगीन सेवे वरवीं नियंत्रीत जाता.

जर तुमचो IBMid हो एक एंटरप्रायझ फेडरेशन भागीदार (ओळख पुरवणदार) वरवीं तयार केला जाल्यार, मुळावी वैयक्तीक म्हायती वळख भागीदार

...त एकठांय करतात आनी IBM कडेन वांटतात.

## आयबीएम वॅबसायटी

आमच्यो वॅबसायटी आमचे विशीं, आमचे उत्पाद आनी सेवां विशीं आमचे कडेन संवाद सादपाचो मार्ग पुरवण करता. आमी वॅबसायटींचेर एकठांय केल्ली माहिती तुमकां वॅबसायटीक एक्सॅस पुरवण करूंक, वॅबसायट ऑपरेट करूंक, तुमचो अणभव सुदारूंक आनी ती माहिती तुमकां पुरवण करपाची पद्धत वैयक्तीकृत करूंक वापरतात. तुमी जरी खात्यांत लॉग इन केल्या बगर आमचे वॅबसायटीक भेट दितात जाल्यार, तुमी वॅबसायटीक भेट दिवपा फाटल्यान संबंदीत आशिल्ली माहिती आमी घडये एकठांय करतले.

आमी वॅबयायटीची चड माहिती एकठांय करूंक वापरतात तें तंत्रज्ञान, आनी तुमच्या प्राधान्यांची मांडावळी विशीं चड माहिती खातीर, कुकीज एण्ड सिमिलर टॅक्नॉलॉजीस पळोवच्यो.

चड जाणून घेवचें

आमच्या वॅबसायटींचे तुमच्या वापरा विशीं आमी माहिती एकठांय करतात, जशीः

- तुमी दृश्य करतात तीं वॅबपानां,
- तुमी पानांचेर कितलो वेळ घालयला,
- वॅबसायटीचे URL जांणी आमच्या पानांचेर तुमकां संदर्भीत केल्यात,
- तुमच्या IP नाम्या वयल्यान घेतिल्ली तुमची भुगोलीक माहिती,
- आनी तुमी वेंचिल्लीं खंयचींय हायरलिंक्स

आमी ही माहिती आमच्या वॅबसायटीं कडेन तुमचो अणभव सुदारूंक आनी वैयक्तीक करूंक, तुमकां घडये आवड आसूं येता अशी सामुग्री पुरवण करूंक, बाजारणी परिज्ञान निर्माण करूंक, बाजारणीआनी आमच्यो वॅबसायटी, ऑनलायन सेवा आनी संबंदीत तंत्रज्ञान सुदारूंक वापरतात.

तुमचो ब्रावजर वा डिव्हायस स्वयंचलीत जी माहिती धाडटा ती लेगीत आमी एकठांय करतात, जशी:

- तुमच्या ब्रावजराचो प्रकार आनी IP नामो,
- ऑपरेटींग सिस्टम, डिव्हायसाचो प्रकार, आनी वर्जनाची माहिती,
- भाशेच्यो मांडावळी

- क्रॅश लॉग्स,
- IBMid ची माहिती (जरी सायन इन केल्लें आसल्यार),
- आनी पासवर्डस.

आमी ही माहिती आमच्या वॅबपानांक तुमकां एक्सॅस पुरवण करूंक, तुमचो डिव्हायस आनी ब्रावजराचेर वॅबपान दृश्य सुदारूंक, तुमच्यो मांडावळी आनी भाशे कडेन जुळोवंक, तुमच्या देशाक प्रासंगिकताये खातीर वा खंयच्याय कायदेशीर गरजां खातीर सामुग्री अनुकूल करूंक वापरतात. तशेंच आमी ही माहिती, यंत्रणाआनी नॅटवर्क सुरक्षा गरजांक पाळो दिवंक आनी सहाय्य पुरवण करूंक वापरतात. चड माहिती खातीर सहाय्य आनी तुमचें आनी आयबीएमाचेंसंरक्षण पळोवचें.

तशेंच आमी नोंदणीकृत वांगड्यां मदीं ऑनलायन वांटणी, सहाय्य आनी सहकार्याक सक्षम करपी प्लॅटफॉर्म आनी फॉरम पुरवण करतात. तुमी ह्या प्लॅटफॉर्मांचेर दाखल केल्ली कसलीय माहिती माजाळ्याचेर हेरांक घडये उपलब्ध करून दिवंक शकतात, वा ह्या प्लॅटफॉर्माचे गुप्तताय कळोवणींत वा नेमांनी आसपाव केल्ल्या प्रमाणें आमी काडूंक शकतात. आमचे उत्पाद वा सेवांच्या वापरा वरवीं तुमी उपलब्ध करून दिल्ली खंयचेय सामुग्री खातीर आमी जापसालदार आसचे नात.

ट्रॅण्डिंग (चालंत) विशय आनी सामान्य बाजारपेठेचें गिन्यान हांचे विशीं परिज्ञान मेळोवपा खातीर आमच्या वॅबसायटींच्या वापरा विशीं आमी अहवाल तयार करतात. वापरकर्त्यांनी आमचे वॅबसायटीचेर सादर केल्ल्या तिसऱ्या पक्षाचे उत्पाद वा सेवां कडेन कशे संवाद सादला वा स्वारस्य दाखला ह्या तपशिला सयत, हे अहवाल तिसऱ्या पक्षांक पुरवण करूंक शकतात.

तिसऱ्या पक्षाच्यो वॅबसायटी वा एप्लिकेशनांचेर पुरवण केल्ली सामुग्री वा गुप्तताय पद्धतीची आमी कसलीच जबाबदारी घेनात.

## आयबीएम एप्लिकेशनां, Cloudआनी ऑनलायन सेवा

आमच्या Cloud आनी ऑनलायन सेवांनी "एज-अ-सर्विस" आनी डॅस्कटॉप एप्लिकेशनां, मोबायल एप्लिकेशनां (वा एप्लिकेशनां) आनी आयबीएम लर्नींग सेवा हांचो आसपाव आसा. आमी ह्या सेवांच्या वापरा विशीं माहिती एकठांय करतात, जशें तुमी दृश्य केल्लीं पानां वा त्या पानांचेर तुमचे जाल्ले परस्पर संवाद, आमची सेवा सुदारूंक आनी विकसीत करूंक आनी तंत्रीक आनी बाजारा संदर्भांतलें परिज्ञान तयार करप

आसा. आमच्या Cloud आनी ऑनलायन सेवांचो वापर करूंकखातीर आमकां घडये IBMid ची आवश्यकता आसूंक शकता. (तुमचे खातें पळोवचें).

चड जाणून घेवचें

आमी cloudआनी ऑनलायन सेवांचेर एकठांय करतात ते माहितींत घडये हें आसपावूंक शकता:

- तुमच्या ब्रावजराचो प्रकार आनी IP नामो,
- सेवे भितर तुमच्यो मांडावळी,
- तुमच्या ब्रावजराचो प्रकार आनी IP नामो,
- ऑपरेटींग सिस्टम, डिव्हायसाचो प्रकार, आनी वर्जनाची माहिती,
- क्रॅश लॉग्स,
- IBMid ची माहिती (जरी सायन इन केल्लें आसल्यार),
- आनी पासवर्डस.

ही माहिती तुमकां एक्सॅस दिवंक, सेवा चालीक लावंक, सहाय्य दिवंक, तुमचो सेवेचो अणभव वैयक्तीक करूंक आनी सुदारूंक, हेर सेवा आनी तंत्रज्ञान विकसीत करूंक आनी तंत्रीक आनी बाजार परिज्ञान उत्पन्न करूंक एकठांय केल्या. ही माहिती एकठांय करूंक आमी वापरतात त्या तंत्रज्ञाना विशीं चड माहिती खातीर, आनी तुमचें प्राधान्य सॅट करूंक, कुकीज एण्ड सिमिलर टॅक्नॉलॉजी पळोवच्यो.

भौशीक cloud पुरवणकर्तो म्हूण, आयबीएम स्पश्टपणान दिल्ले संमती बगर बाजारणीबाजारणी आनी जायरातीच्या उद्देशां खातीर कंत्राटा खाला प्रक्रमण केल्ली वैयक्तीक माहिती वापरिना.

मोबायल एप्लिकेशन गुप्तताय कळोवण्यांनी एप्लिकेशनान एकठांय केल्ली माहिती विशीं तपशील पुरवण करूंक शकता, जशें भुगोलीक-ठिकाणाचीा माहिती वा डिव्हायसाचो विशिश्ट वापरपी- आयडी. सर्वरांक जोडूंक आनी एप्लिकेशनां मदीं डिव्हायसाचो वापर जोडूंक अद्वितीय वापरपी- आयडी वापरतात. एपाच्या कार्यांचेर आदारून तुमी मांडावळ मेनू वापरून वा तुमच्या वापरप्याच्या प्रोफायलांत तुमची गुप्तताय मांडावळ तयार करूंक शकतात.

आयबीएम लर्नींग हें शिक्षण सेवा पुरवण करता आनी गरज आसता तेन्ना तुमकां क्रॅडॅन्शियल्स, प्रमाणपत्रां वा फुडली माहिती दिवंक शकपा खातीर अभ्यासक्रम पुराय करपा विशीं माहिती एकठांय करता.

आमी तिसऱ्या पक्षाचे वॅबसायटीचेर वा एप्लिकेशनां वयल्यान दिल्ले सामुग्रीची, वा गुप्तताय पद्दतीची कसली जबाबदारी घेनात.

---

## बाजारणीबाजारणी

तुमच्या प्राधान्याचेर आदारीत, आमी एकठांय केल्ली माहिती संबंदीत उत्पाद, सेवा आनी ऑफरीं विशीं तुमचे कडेन संवाद सादपा खातीर आमी वापरतात. तशेंच आमची सामुग्री कडेन आनी जायरातीं कडेन तुमचो ऑनलायन अणभव वैयक्तीक करूंक आनी अंतर्गत बाजारणीबाजारणी आनी वेवसायीक बुद्दिमत्ता विकसीत करूंक आमी ही माहिती वापरतात. ईमेल, फोन, वा टपाला वरवीं बाजारणी वेव्हारा संबंदान बाजारणीतुमचें प्राधान्य सॅट वा अद्यावत करूंक [IBM Privacy Preference Center भेट दिवची] तुमी एक [ऑप्ट- आवट मागणीदाखल], करूंक शकतात वा दरेकी बाजारणी ईमेलीच्या तळाक दिल्लें वर्गणी काडची वेंच्चें.बाजारणी आमचे वॅबसायटीचेर तुमचे विशीं ऑनलायन, आमी एकठांय केल्ली माहिती संबंदान तुमचें प्राधान्य सॅट करूंक वा नियाळूंक, वॅबसाटीच्या तळा कडेन आशिल्लें कुकीज प्राधान्य वेंच्चें.

---

चड जाणून घेवचें

बाजारणीबाजारणी उद्देशां खातीरखातीर जी माहिती एकठांय केल्ली आसता ताचो आमी वापर करतात. हातूंत घडये हे माहितीचो आसपाव आसूंक शकता:

- तुमच्या आयबीएमा कडेन संवादांतल्यान थेट एकठांय केल्ली, जशी कार्यांक हाजीर रावप वा ऑनलायन नोंदणीकरण फॉर्म दाखल करप.
- तिसऱ्या पक्षाच्या डेटा पुरवणदारां कडल्यान मेळिल्लें, तिसऱ्या पक्षान कायदेशीर रितीन माहिती मेळयल्या आनी आमच्या बाजारणीबाजारणी संचारणांत वापरपा खातीर आयबीएमा कडेन माहिती दिवपाचो अधिकार आसा हाची खात्री करपी नियंत्रणां खाला आसा.
- आमच्या वॅबसायटींचेर वा आयबीएम ईमेल आनी सामुग्री कडेन तुमच्या संवादांतल्यान एकठांय केल्ली, तिसऱ्या पक्षाचे सायटीचेर आशिल्ली

सामुग्री सयत. ही माहिती एकठांय करूंक आमी वापरतात त्या तंत्रज्ञानां विशीं चड माहिती खातीर, कुकीज एण्ड सिमिलर टॅक्नॉलॉजी पळोवच्यो.

तुमच्या प्राधान्याचेर आदारीत, आमी घडये ही माहिती तुमकां आयबीएम उत्पाद, सेवा आनी ऑफरिंग्सां विशीं बाजारणी करूंक वापरूंक शकतात. देखीक, आमी घडये:

- तुमकां ईमेल, टेलिफोन, वा टपाला वरवीं संपर्क करूंक शकता.
- आयबीएम उत्पाद आनी सेवां कडेन तुमचो अणभव वैयक्तीक करचो, जसो चड प्रसंगोचीत सामुग्रीची वांटणी वा आमचे वॅबसायटीचेर नोंदणीकरण फॉर्म पूर्व-भरप.
- आमी वा अधिकृत तिसऱ्या पक्षांनी आयबीएम वॅबसायटीं कडेन तुमच्या संवादां विशीं, आमची सामुग्री, ईमेल, वा वेंचीक भुगोलांत, तुमच्या हॅश्ड केल्ल्या ईमेल नाम्याक जोडिल्ल्या कार्या विशीं एकठांय केल्ली माहिती आदारीत तिसऱ्या पक्षाचे वॅबसायटीचेर लक्ष्य केल्ली आयबीएम जायराती पावोवची.

तुमचो ईमेल नामो, फोन वा टपाल नामो वापरून बाजारणीबाजारणी कार्यवेवस्था संबंदी तुमचें प्राधान्य सॅट करूंक वा अद्यावत करूंक, IBM Privacy Preference Center भेट दिवची, तुमी एक करूंक शकतात वा दरेकी बाजारणी ईमेलींतल्यान **वर्गणी काडप** वेंच्चें. बाजारणीवैयक्तीकरण वा लक्ष्य केंद्रीत केल्ल्या जायराती खातीर तुमच्या हॅश्ड केल्ल्या ईमेलाच्या वापरांतल्यान प्रस्थान करूंक, तुमी ह्या खंयच्याय पर्यायांचो वापर करून तुमची ईमेलाची संमती फाटीं घेवंक शकतात.

आमचे वॅबसायटींचेर तुमचे विशीं आमी ऑनलायन, एकठांय केल्ली माहिती संबंदीत तुमचें प्राधान्य नियाळ घेवंक वा सॅट करूंक, वॅबसायटीच्या तळा कडेन कुकी प्राधान्य वेंच्चें.

तशीच आमी ही माहिती बाजारणीबाजारणी आनी वेवसायीक बुद्धिमत्ता विकसीत करूंक वापरतात, जी आमचे वेवसायीक संचालना खातीर गरजेची आसा. देखीक, आमी घडये:

- तुमची आवड आनी संभाव्य वेवसायीक गरजो चड समजून घेवंक आमी एकठांय केल्ली माहिती एकत्रीत करतले.
- आमचे बाजारणीबाजारणी मोहिमांची आनी कार्यवेवस्थेची परिणामकारकता मेजूंक आनी माहिती आशिल्ले वेवसायीक निर्णय आनी गुंतवणूक करूंक फुडें वचूंक एकठांय केल्लो डेटा वापरतले.
- बाजारणीबाजारणी प्रेक्षक विकसीत करप आनी मॉडलिंग करपाच्या उद्देशान आयबीएम वॅबसायटीक भेट दिवप्यां विशीं एकठांय केल्ली माहिती एकठांयतले.

## कंत्राटी संबंद

आमचे कडल्यान जेन्ना तुमी एक ट्रायल, वा उत्पाद वा सेवा मागयता तेन्ना कंत्राटी संबंद निर्माण जाता. आमी मुखेलपणान आमचे उत्पाद आनी सेवा वेवसायांक दितात, पूण व्यक्तींनी आमचे कडेन थेट ग्राहक म्हूण करारूय करूंक शकतात. कंत्राटी कराराची तयारी करूंक, प्रवेश करूंक आनी पुराय करूंक योग्य गरजेची खंयचीय माहिती आमी एकठांय करूंक शकतात.

चड जाणून घेवचें

कंत्राटा संबंदान एकठांय केल्ले माहितींत मागणी करप्याची संपर्क माहिती, IBMid आनी ऑर्डरीचे तपशील आसपावूंक शकतात. शिपमॅण्ट आनी फारीकणी, सेवांचे अंमलबजावणी खातीर वा उत्पाद वा सेवांक एक्सॅस दिवंक आवश्यक आशिल्ली माहिती लेगीत एकठांय करूं येतात.

खातीर ही माहिती वेग-वेगळ्या उद्देशां खातीर एकठांय करूं येता, उत्पाद वा सेवांच्या स्वरूपाचेर आदारून, देखीक, कंत्राटी वेवस्थापन आनी पालन करपा खातीर, आदार दिवंक, आमचे उत्पाद आनी सेवांच्या सुदारणां खातीर वा विकासा खातीर, ग्राहक समाधान सर्वेक्षणां खातीर तुमकां संपर्क करूंक आनी तंत्रीक आनी बाजारपेठेचें परिज्ञान निर्माण करप आसा. चड माहिती खातीरखातीर, आयबीएम एप्लिकेशनां, Cloud आनी ऑनलायन सेवा पळोवच्यो.

कराराच्या संबंदान एकठांय केल्ले माहितीचेर प्रक्रिया करचे पयलीं, संमती मेळयले बगर बाजारणीबाजारणी आनी जायरातीच्या उद्देशां खातीर वापरिना.



## सहाय्य सेवा

तुमी जेन्ना सहाय्याची मागणी करूंक आमकां संपर्क करतात, तेन्ना तुमची संपर्क माहिती, समस्येचें वर्णन आनी संभाव्य उपाय आमी एकठांय करतात. सहाय्या संदर्भांतलीं चवकशी हाताळूंक, प्रशासकीय उद्देशां खातीर, तुमचे कडेन आमचो संबंद वाडोवपा खातीर, कर्मचाऱ्यांच्या प्रशिक्षणाक आनी गुणवत्ता आश्वासनाच्या उद्देशां खातीर आमी दिल्ले माहितीची नोंद करतात.

चड जाणून घेवचें

तुमी जेन्ना सहाय्या खातीर आमकां संपर्क करतात, जातूंत लायव चॅटाचो आसपाव आसता, तेन्ना ताच्या आदारान तुमची संपर्क माहिती, समस्या वर्णन, आनी शक्य आशिल्ले थराव, ही माहिती आमी एकठांय करतात. हातूंत आमचे कडेन तुमी केल्ल्या संवादांचें रॅकॉर्डींग वा ट्रान्सक्रिप्ट आसपावंक शकता. तुमी सहाय्या खातीर केल्ले मागणी कडेन संबंदीत आशिल्ल्या उत्पाद वा सेवांची माहिती दिवपा खातीर, आमी ही माहिती वापरूंक शकतात. हातूंत उत्पाद अद्यावत वा सुदारणांचो आसपाव आसूं येता, आनी तुमचे वा तुमचे संस्थे कडेन आमी हेर संवादांतल्यान एकठांय केल्ली माहिती एकठांय करून उत्पाद आदाराच्या संदर्भांत चड मोलादीक सुचोवण्यो दिवंक शकतात, जशें समस्या संबंदीत उपलब्ध आशिल्लें कसलेंय प्रशिक्षण.

आमी सहाय्य संदर्भांतलें प्रकरण हाताळटना, तुमी दिल्ले माहितीचो वा तुमचे यंत्रणेचेर आशिल्ले माहितीक आमकां घडये आकस्मीक एक्सॅस मेळूंक शकता. हे माहितींत तुमचे विशीं, तुमचे संस्थेच्या कर्मचाऱ्यां विशीं, ग्राहकां विशीं वा हेर संबंदीत पक्षां विशीं माहिती आसूं येता. ही माहिती हाताळप आनी प्रक्रमण करपा संबंदीत लागू आशिल्ल्या वापरपाच्या नेमांनी वा तुमची संस्था आनी आयबीएम हांचे मदल्या हेर करारांनी आसपावतात, जशे निदान डेटाचें आदान-प्रदान करपा खातीर वापराचे नेम.

## मची आनी आयबीएमाची राखण करप

तुमकां आनी आयबीएमाक आयटी सुरक्षा धोक्यांतल्यान राखण दिवंक आनी आमी दवरिल्ली माहिती माहिती अनाधिकृत प्रवेश, प्रकटीकरण बदल वा नश्ट जावपा पासून सुरक्षीत दवरूंक आमी माहिती माहिती एकठांय करूंक आनी वापरूं येता. हातूंत आमच्या आय.टी प्रवेश प्राधिकरण प्रणालींतल्या माहितीचो माहिती, जशें लॉगइन केल्ल्याची माहिती, आसपाव जाता. माहिती.

चड जाणून घेवचें

तुमची माहिती, आमची मुळावी बांदावळ, आनी आमच्या नॅटवर्कांची राखण करूंक आमी वापरतात ते सुरक्षा उपाय IP नामे आनी लॉग फायलीं सारकी माहिती एकठांय करूंक शकतात. खंयच्याय संभाव्य सुरक्षा घडणुकांची चवकशी करूंक आनी सुरक्षा धोक्यांचेर अंतर्दृश्टी निर्माण करूंकसुरक्षा कार्यांची कार्यक्षमताय आनी उपयुक्तते खातीर हें गरजेचें आसा.

अनाधिकृत प्रवेश, व्हायरस आनी दुर्भावनायुक्त कार्यां संकेत सोदून काडूंक आमी आयटी प्रणाली आनी नॅटवर्कांत प्रवेश बिंदूचेर, आनी तातूंत माहिती एकठांय करूंक खाशेलीं साधनां आनी हेर तंत्रीक साधनां वापरूंक शकतात. . आमी एकठांय केल्ली माहिती अनाधिकृत प्रवेश, हानिकारक वा दुर्भावनायुक्त कार्यावळींचो दुबाव येता तेन्ना तपास करूंक आनी हानिकारक कोड वा आशय काडून उडोवंक वा वेगळी करूंक वापरूं येता.

## आयबीएम ठिकाणां

तुमी जेन्ना आयबीएम ठिकाणांचेर भेट दितात, तेन्ना आमी तुमचें नांव वा वेवसाय संपर्काची माहिती एकठांय करतात (तुमचें खातें पळोवचें) आनी कांय प्रकरणांनी, सरकारान जारी केल्ल्या आयडी कडल्यान माहिती एकठांय करतात. ही माहिती प्रवेश वेवस्थापना खातीर आनी आमच्या ठिकाणांची आनी कर्मचाऱ्यांची सुरक्षीतताय आनी सुरक्षेची राखण करपा खातीर एकठांय केल्या.

चड जाणून घेवचें

आमच्या थळांनी एकठांय केल्ली माहिती प्रवेश बॅज जारी करूंक वापरतात. आमी कायदेशीर रितीन परवानगी दिल्ल्या सुवातींचेर भेट दिवप्यांची वळख तपासूं येता आनी सायटींचेर काम करपी पुरवणदाराच्या कर्मचाऱ्यां खातीर, वळख उद्देशां पासत फोटो वळख आशिल्ल्या बॅजाची मागणी करूं येता.

आमचीं ठिकाणां, कर्मचारी आनी मालमत्तांची सुरक्षीतताय आनी सुरक्षेच्या कारणांक लागून कॅमेऱ्याच्या आदारान देखरेख आनी प्रवेश वेवस्थापन वापरतात.. अदीक माहिती आयबी एमाच्या ठिकाणाचेर उपलब्धआसूंक शकता.

## भरती आनी आदले कर्मचारी

आमी आमच्या संस्थे खातीर सातत्यान नव्या प्रतिभेचो सतत सोद घेतात, आनी आमी जायत्या स्त्रोतां कडल्यान नोकरी अर्जदार वा संभाव्य उमेदवारां विशीं माहिती एकठांय करतात. अर्जदारांक चड माहिती खातीर [Talent Acquisition Privacy Notice] कडेन संदर्भीत करतात. जेन्ना कर्मचारी आयबीएम सोडटा, खंयच्याय उरिल्ल्या वेवसाय, कंत्राटी, रोजगार, कायदेशीरपण, आनी अर्थीक उद्देशां खातीर आमी तांचे कडेन संबंदीत आशिल्ले माहितीची, प्रक्रिया चालू दवरतात, जातूंत आयबीएमा कडल्यान हाताळिल्ल्या पेन्शनाचें वेवस्थापन करपाचो आसपाव आसता. -.

चड जाणून घेवचें

भरती संबंदी, आमी भरती मध्यस्थांच्या आदारान संभाव्य उमेदवार सोदूंक शकतात आनी विशिश्ट कार्यवेवस्थे खातीर सोशल मिडियाच्या माचयेर भौशीकपणान उपलब्ध आशिल्ली माहिती वापरून संभाव्य उमेदवारांची वळख करूंक शकतात.

जेन्ना कर्मचारी आयबीएम सोडटा, तेन्ना आमी त्या आदल्या कर्मचाऱ्या कडल्यान आयबीएमांत तांच्या नोकरे विशीं मुळवी माहिती सांबाळटा.

कर्मचारी निवृत्त जाले उपरांत, निवृत्त जाल्ल्या कर्मचाऱ्याच्या पॅन्शना संदर्भांतलीं दायित्वां पुराय करपा खातीर आमी निवृत्त जाल्ल्या कर्मचाऱ्याविशीं माहिती प्रक्रिया करतात. पॅन्शन प्रक्रिया करपा विशींची माहिती, वा हेर निवृत्ती कार्यां विशींची माहिती पॅन्शनांक जापसालदार आशिल्ल्या थळाव्या संस्थां कडेन मेळूं येता. थोड्या देशांनी, ही एक स्वतंत्र संस्था आसूं येता. कांय प्रकरणांनी, निवृत जाल्ले लोक अजूनय आयबीएम - आयोजीत उपक्रम वा कार्यांनी वांटो घेवंक शकतात, जशें स्वयंसेवी आनी समाजीक जापसालदारकी कार्यां.. असो सहभाग हो आपखोशयेचो आसता, आनी अशा उपक्रमां संदर्भांतली अदीक माहिती, संबंदीत संकेतथळां वा माहिती पानांचेर दिल्या.



## आमचीं वेवसायीक कार्यां चलोवप

आमचीं वेवसायाचीं संचालनां, प्रणाली, प्रक्रिया सुदारपा खातीर आमी माहिती एकठांय करतात आनी ताचो उपेग करता. देखीक, आमचीं कार्यां चलोवंक, सांबाळूंक, ऑडीट करूंक, अनुकूल करूंक, आमच्यो मालमत्ता आनी कर्मचाऱ्यांची राखण करूंक, उत्पादन उदरगती खातीर आनी आमच्या हक्कांचें संरक्षण करूंक माहिती वापरूं येता.

चड जाणून घेवचें

संस्था, वेवसायां विशीं माहिती आशिल्ले निर्णय घेवंक आनी कार्यप्रदर्शन, ऑडीट आनी पद्दतीं विशीं अहवाल दिवपा पासत आमी आमच्या वेवसाय संचालनां विशीं माहिती एकठांय करतात. देखीक, ही माहिती आमच्या कार्यांचे मोल आनी दर्ज्याची पारखणी करूंक आमी वापरतात. जंय शक्य आसा थंय,, एकठांय केल्ली माहिती वापरून हें करतात, पूण वैयक्तीक माहितीचो उपेग करू शकता.

आमच्या वेवसायीक वेवस्थेंतल्यान आमी ही माहिती एकठांय करतात आनीताचो उपेग करता, जातूंत सकयल्यो गजाली करूंक वैयक्तीक माहितीचो आसपाव जावंक शकता:

- आमच्या हक्कांचे संरक्षण वा अंमलबजावणी करप, जातूंत कपटीपणां सोदून काडप वा गुन्यांवकारी कृत्यां ह्या गजालींचोय आसपाव जाता. (देखीक, वेतन वेवस्थेच्या माहितीचो वापर करप.)
- वाद हाताळप आनी सोडोवप
- कागाळी संदर्भांत जाप दिवप आनी आय बी एमाचो कायदेशीर प्रक्रियेंत बचाव करप
- आनी ज्या देशांनी आमी वेवसाय करता थंयच्या कायदेशीर बंधनांक पाळो दिवप

आमी आमच्या वेवसाय प्रक्रियेंतल्यान, संकेतथळ, Cloud आनी ऑनलायन सेवा, उत्पाद वा तंत्रगिन्यान, हांच्या वापरांतल्यान माहिती एकठांय करतात. ह्या माहिती भितर, वैयक्तीक माहितीचो आसपाव जावं शकता आनी जाचो उपेग उत्पाद आनी प्रक्रियेचो विकास करूंक करतात. देखीक, आमी ही माहिती कार्यक्षमता वाडोवपा खातीर, खर्च उणो करूंक, स्वयंचलीत प्रक्रिया आनी साधनां विकसीत करून सेवा सुदारपा खातीर, वा तंत्रज्ञान जाचेर आदारीत आसा ताची सुदारणां आनी विकसीत करपा पासत हे माहितीचो वापर करता.

## कुकीज आनी तशेच तरेचें तंत्रज्ञान

जेन्ना तुमी आमच्या संकेतथळांचेर, Cloud आनी ऑनलायन सेवा, सॉफ्टवॅर उत्पादनां, वा कांय तिसऱ्या - पक्षाच्या वॅबसायटींचेर पळयल्ले सामुग्रीक ह्या संदर्भांत भेट दितात, तेन्ना आमी तुमी केल्ल्या जोडणे (कनॅक्शन) संदर्भांत आनी वेगवेगळ्या ऑनलायन ट्रॅकिंग तंत्रज्ञान वापरून तुमची कार्या जशें कुकीज, वॅब बीकन, थळावो सांठो, वा HTML5ह्या संदर्भांतली माहिती एकठांय करतात. ह्या तंत्रगिन्यानां वरवीं एकठांय केल्ली माहिती वॅबसायटी वा सेवांक चलोवंक,कार्यां सुदरूंक आमच्यो ऑनलायन सेवा कशे तरेन उपेगाच्यो आसात हें समजूंक मदत मेळटा, वा वापरप्यांची आवड थारावपाक गरजेचें थारूं शकता. आयबीएम आनी हेर थळांचेर अशे तरेच्या तंत्रगिन्यानाचो उपेग करपाक आमी जायरात भागीदारांची पुरवण आनी सहाय्य करतात.

चड जाणून घेवचें

कुकी म्हणल्यार वॅबसायट तुमच्या ब्रावजराक धाडूंक शकता असो डेटाचो एक कुडको आसता,.तुमच्या संगणकाचेर सांठोवंयेता आनी तुमचो संगणक वळखुपाक वापरूं येता. पिक्सल आनी टॅग हाचों आसपाव आशिल्लें वॅब बीकन हीं अशीं तंत्रज्ञानां आसात जीं आयबीएम वॅब पानाक भेट दिवपी वापरकर्तो वा वॅब पान दुसऱ्या संकेत थळार कॉपी केल्लें हाचेर लक्ष दवरूंक वापरतात. थळाव्यो वांटून घेतिल्ल्यो वस्तू भेट दिल्ल्या वॅब पानांचेर दाखयल्ल्या आशयाची माहिती, आनी प्राधान्य सांठोवन दवरूंक शकतात. आमच्या वॅबसायटींचेर जोडिल्लीं वैशिश्ट्यां दिवपाक वा तुमच्या आवडीचेर आदारीत हेर वॅबसायटींचेर लक्ष्य केल्ली IBM जायरात (तुमच्या कुकी पसंतींचेर आदारून) दाखोवंक ह्या सगळ्या तंत्रज्ञानांचो वापर करूं येता. ईमेल संदेश वा खबरांपत्रां कडेन तुमचे संवाद मागोवपाकय वेब बीकन वापरूं येतात, जशें की, संदेश उगडल्यात वा दुवे निवडल्यात तें थारावूंक.

तुमचे प्रगती पानांतल्यान पानाचेर मागोवपाक जाका लागून तुमकां सद्याच्या सत्रांत पयलींच दिल्ले माहितीची मागणी करची पडची ना, वा वेव्हार पुराय करपाक जाय आशिल्ली माहिती मेळोवपाक सत्र कुकीज वापरूं येता. वेब ब्रावझर बंद केल्या उपरांत सत्र कुकीज मिटयतात.

IBM कडल्यान जारी केल्लीं खर कुकीज दर 14 म्हयन्यांनी सोंपतात. IBM आपल्या संकेतथळांचेर विक्रेत्यांनी जारी केल्लीं कुकीज परवानगी दिता. विक्रेत्यांनी जारी केल्ल्या कुकीं खातीर, टिकपी कुकी धारणा काळ विक्रेत्याच्या गुप्तताय धोरणांत आस्पावतात.

आमी वापरतात त्या ऑनलायन ट्रॅकिंग तंत्रज्ञानां विशीं चड जाणून घेवंक आनी आमच्या वॅबसायटींचेर आमी तुमचे विशीं एकठांय केल्लेमाहिती संबंदीत तुमचे पसंतीचो नियाळ करपाक वा सेट करपाक तुमी आयबीएम कुकी वेवस्थापक वापरूं येता. आयबीएम कुकी वेवस्थापक एक तर तुमी पयलेच खेपे वॅबपानाक भेट दितना अधिसुचोवणी पटल म्हणून सादर करतात वा वॅबसायटीच्या तळटीपांत कुकी पसंती निवडून उगडटात. आयबीएम कुकी वेवस्थापक सगळ्या प्रकारच्या ट्रॅकिंग तंत्रज्ञानांक (देखीक, ईमेल पिक्सेल्स) संबोधीत करीना. मोबायल ऍप्लिकेशनां वापरतना, मांडावळ वेवस्थापन करूंक तुमच्या मोबायल डिव्हायसा वयले पर्याय वापरचे.

आयबीएम कुकीज आडावप, अक्षम करप वा न्हयकारप हाका लागून सेवा योग्य रितीन काम करूंक शकना, जशें, शॉपिंग कार्टी संबंदीत, वा तुमकां सायन इन करपाची गरज आशिल्ल्या वॅबसायटींचो वा आयबीएम Cloud सेवांचो वापर आडावंक शकता. कुकीज अक्षम केल्यार हेर ऑनलायन ट्रॅकिंग तंत्रज्ञान अक्षम जायना, पूण हेर तंत्रज्ञानांक कुकीजांत सांठयल्ल्या खंयच्याय तपशीलांत प्रवेश करपाक आडायता.

आमचीं संकेतथळां तिसऱ्या पक्षाचे सोशल मिडिया पर्याय वापरपाची शक्यताय दितात. तुमी हे पर्याय वापरपाक निवडल्यार, ह्यो तिसऱ्या पक्षाच्यो सायटी तुमचे विशीं माहिती लॉग करूंक शकतात, जशें की तुमचो IP नामो, प्रवेश वेळ आनी संदर्भ दिवपी वेबसायटी यूआरएल. तुमी त्या सोशल मिडिया सायटींचेर लॉग इन केल्यार, ते एकठांय केल्ली माहिती तुमच्या प्रोफायल माहिती कडेनय जोडूंक शकता. ह्या तिसऱ्या पक्षाच्या सेवांच्या गुप्तताय पद्दतींची आमी कसलीच जापसालदारकी स्वीकारनात आनी चड माहिती खातीर तांच्या गुप्तताय धोरणांचो नियाळ घेवंक तुमकां प्रोत्साहन दितात.

आनी ब्रावजर मांडावळी वापरून हीं तंत्रज्ञानां कशीं काडून उडोवचीं हाचे विशीं [illegible] खातीर, https://www.allaboutcookies.org/.पळोवचें.

## भुरगीं

हेर निर्देशना शिवाय, आमची वेबसायट, उत्पादन आनी सेवा कमी पिरायेच्या भुरग्यांक वापरपाक मेळाना हें तांच्या न्यायाधिकार क्षेत्रांत स्पश्ट केल्ले आसा.

---

# वैयक्तीक माहिती वांटप

तुमची वैयक्तीक माहिती आमी पुरवणदार, सल्लागार वा वेवसायीक भागीदारांक अंतर्गत आनी भायल्यान आयबीएमाच्याकायदेशीर वेवसायीक उद्देशां खातीर आनी फकत जाणून घेवपाची गरज आशिल्ल्या तत्वाचेर वांटूंक शकतात. आमी माहिती कशी धाडटात आनी ती वांटणी कशी सुलभ करतात हाचें वर्णन ह्या विभागांत केलां.

# आमी वैयक्तीक माहिती कशी धाडटात

वैयक्तीक माहिती धाडटना, लागू आशिल्ल्या कायद्या प्रमाणें माहिती वांटूं येता हाची खात्री करपा खातीर आमी योग्य तपासणी आनी नियंत्रण चालीक लायतात.

आमी कांय देशांनी वेवसाय विकपाचो, खरेदी करपाचो, विलीन करपाचो वा हेर तरेन पुनर्गठन करपाचो निर्णय घेतल्यार, अशा वेव्हारांत संभाव्य वा प्रत्यक्ष वेवसाय खरेदीदारांक कांय वैयक्तीक माहिती उक्ती करप, वा अशे वेवसाय विकपी लोकां कडल्यान वैयक्तीक माहिती एकठांय करप हांचो आस्पाव आसूं येता.

---

चड जाणून घेवचें

भितरल्यान, वैयक्तीक माहिती आमच्या वेवसायीक उद्देशां खातीर वांटून घेतात: कार्यक्षमताय सुदारपा खातीर, खर्च वाटोवपा खातीर, आनी आमच्या उपकंपन्यांच्या अंतर्गत सहकार्या खातीर (जशें की, Red Hat). देखीक, आमी तुमचे कडेन आनी हेर भायल्या पक्षां कडेन आमचें संबंद वेवस्थापन करप, पालन कार्यावळी, वा प्रणाली आनी नेटवर्क सुरक्षा अशी वैयक्तीक माहिती वांटूं येता.

वैयक्तीक माहितीचो आमचो अंतर्गत प्रवेश मर्यादीत आसा आनी फकत जाणून घेवपाची गरज आशिल्ल्या तत्वाचेर मंजूर केला. ही माहिति वांटप योग्य कंपनी भितरली वेवस्था, आमचीं धोरणां आनी सुरक्षा मानकांचेरआदारीत आसता. चड माहिति खातीर पळयात, कायदेशीर आदार.
भायल्यान,

- पुरवणदारां कडेन आशिल्ल्या आमच्या वेवसायांत आमचे वतीन वैयक्तीक माहिती एकठांय करप, वापरप, विश्लेशण करप वा हेर प्रकारची प्रक्रिया आसपावूं येता.
- आमच्या वेवसायीक मॉडेलांत बाजारणी, विक्री, आनी आयबीएम उत्पाद आनी सेवा पुरवण करपा खातीर स्वतंत्र वेवसाय भागीदारांक सहकार्याचो आसपाव आसा. फावो त्या सुवातेर (देखीक, ऑर्डर पुराय करपा खातीर गरज पडटा तेन्ना), आमी निवडिल्ल्या वेवसायीक भागीदारांक वेवसायीक संपर्क माहिती धाडटात.
- आमी तांची सेवा मेळोवपा खातीर वकील, लेखापरीक्षक आनी विमो कंपनीं सयत वेवसायीक सल्लागारांक वैयक्तीक माहिती धाडूं येता.
- आमी हेरां कडेन कंत्राटी संबंदाची माहिती धाडूं येता, देखीक, आमचे वेवसायीक भागीदार, अर्थीक संस्था, शिपींग कंपनी, टपाल, वा सरकारी अधिकाऱ्यांक, जशे की पूर्णतायेंत वांटो घेवपी कस्टम प्राधिकरण.
- आमी तिसऱ्या पक्षां कडेन वैयक्तीक माहिती धाडूं येता, जशें की, जायरात तंत्रज्ञान भागीदार, डेटा विश्लेशण पुरवणदार आनी समाजीक नेटवर्क तांच्या प्लॅटफॉर्मांचेर लक्ष्य केल्ल्यो आयबीएम जायराती पावोवंक, विश्लेशणा खातीर माहिती एकठांय करूंक आनी त्या जायरातीं कडेन संलग्नताय मागोवंक गुंतयल्लीं आसता.

---

कांय परिस्थितींत, वैयक्तीक माहिती न्यायालयीन कार्यवाही, न्यायालयीन आदेश वा कायदेशीर प्रक्रियां प्रमाण सरकारी एजन्सींक दाखोवपाक शकता. तशेंच आमी आयबीएम वा हेरांचो हक्क राखपा खातीर वैयक्तीक माहिती धाडूं येता, जेन्ना आयबीएमाक अशा हक्कांचेर परिणाम जावंक शकता अशें दिसता, देखीक, फटवणूक आडावपा खातीर.

# आंतरराष्ट्रीय हस्तांतरण सुविधा दिवप

तुमची वैयक्तीक माहिती जागतीक पांवड्यार आयबीएम उप-कम्पनी आनी तिसऱ्या पक्षांक हस्तांतरीत करूंक वा वापरूंक शकता. तुमची वैयक्तीक माहिती खंयूय आसूं, ती सुरक्षीत दवरपा खातीर IBM देशां मदीं वैयक्तीक माहिती हस्तांतरण करपा विशींच्या कायद्यांक पाळो दिता.

आमी वेग-वेगळे सुरक्षा उपाय चालीक लायल्यात, तातूंत:

- कराराचीं कलमां, जशें की, युरोपीय संघटनेच्या आयोगान मान्य केल्लें आनी हेर जायत्या देशांनी मान्य केल्लें.
- माहिती गुप्तताय रचणूक प्रमाणीकरण. लागू आशिल्ले सुवातेर, कांय नियुक्त आयबीएम सेवा (देखीक, आयबीएमइन्फ्रास्ट्राकचर-ऍज-अ-सर्व्हिस, प्लॅटफॉर्म-ऍज-अ-सर्व्हिस, सॉफ्टवॅर-ऍज-अ-सर्व्हिस, आनी हेर वेंचून काडिल्लीं होस्ट केल्लीं ऑफरिंग्स) माहिती गुप्ततायेक पाळो दिवंक प्रमाणीत केल्यांत. चड माहिती खातीर, प्रमाणीत आयबीएम Cloud सेवां खातीर आयबीएम माहिती गुप्तताय रचणूक धोरण पळोवचें.
- नियंत्रकां खातीर बंधनकारक कॉर्पोरेट नेम (IBM BCR-C). आमचे कडेन युरोपीय माहिती संरक्षण प्राधिकरणां आनी UK माहिती आयुक्त कार्यालयान मान्य केल्लो BCR-C आसा. चड माहिती खातीर, IBM Controller Binding Corporate Rules पळयात.
- ह्या गुप्तताय विधानांत वर्णीत केल्ली IBM ची गुप्तताय पद्दती, APEC शिमे भायर गुप्तताय नेम चौकटीक पाळो दितात. APEC शिमे भायर गुप्तताय नेम (CBPR) पद्दत ibm.com वरवीं एकठांय केल्ल्या ऑनलायन माहिती कडेन संबंदीत आशिल्ल्यान सहभागी APEC अर्थवेवस्थे मदीं हस्तांतरीत केल्ली वैयक्तीक माहितीक संरक्षण दिता.

---

# नियंत्रक आनी प्रतिनिधी माहिती

आयबीएम संवसारभर आपल्या उपकंपन्यांच्या माध्यमांतल्यान वेवसाय करता. कांय देशांतले गुप्तताय कायदे नियंत्रकाक कायदेशीर संस्था (वा सैमीक व्यक्ती) मानतात जी वैयक्तीक माहितीचेर प्रक्रिया खंयच्या उद्देशां खातीर वापरता आनी ती माहिती कशी प्रक्रिया करतात हाची व्याख्या करता. नियंत्रका वतीन प्रक्रिया कार्यावळींत वांटो घेवपी पक्षांक प्रोसेसर म्हणून नियुक्त करूं येता. अधिकार क्षेत्राचेर आदारून पदनाम आनी संबंदीत दायित्वां वेगवेगळीं आसतात.

जंय तुमच्या देशांतल्या गुप्तताय कायद्यां खातीर हें संबंदीत आसा, थंय तुमची वैयक्तीक माहिती नियंत्रक तुमच्या देशांतली वा प्रदेशांतली आयबीएमाची मुखेल उप-कम्पनी आसा, जो मेरेन इन्टरनॅशनल बिझनेस मशिन्स कॉर्पोरेशन (IBM Corp) ना वा दुसरी आयबीएम उप-कम्पनी तुमचे कडेन विशिश्ट संवाद सादपा खातीर नियंत्रक म्हणून स्वताक निवडटा. उप-कम्पनीउप-कम्पनी

IBM कॉर्पोरेशन वा आमच्या मुखेल गुप्तताय आनी जबाबदार तंत्रज्ञान अधिकाऱ्या कडेन संपर्क सादूं येता:

इण्टरनॅशनल बिझनेस मशिन्स कॉर्पोरेशन ,<br>
1, नॉर्थ कॅसल ड्रायव्ह,<br>
आर्मोंक,

न्यूयॉर्क,
US States.

देशातील किंवा प्रदेशातील मुख्य उपकंपनीचे संपर्क तपशील हांगा मेळूं येता.

जंय IBM Corp. वा ताचे नियंत्रणांत आशिल्ली उप-कम्पनी कायदेशीर प्रतिनिधी नेमपाची गरज आसता, थंय सकयल दिल्ले प्रतिनिधी नेमल्यात.

European Economic Area (EEA)

IBM International Group B.V.,
Johan Huizingalaan 765,
1066 VH Amsterdam,
The Netherlands

United Kingdom (UK)

IBM United Kingdom Limited,
PO Box 41, North Harbour,
Portsmouth,
Hampshire, PO6 3AU,
United Kingdom

# माहिती सुरक्षा आनी धारणा

तुमची वैयक्तीक माहिती अनधिकृत प्रवेश, वापर आनी प्रकटीकरणांतल्यान राखपा खातीर, आमी वाजवी भौतिक, प्रशासकीय आनी तंत्रीक सुरक्षा चालीक लायतात. ह्या सुरक्षा उपायांत भुमिका आदारीत प्रवेश नियंत्रण आनी संक्रमणा वेळार वैयक्तीक माहिती खाजगी दवरपा खातीर एनक्रिप्शन आसपावीत आसा. तशेंच, अनधिकृत प्रवेश, वापर आनी प्रकटीकरण हांचे पासून माहिती राखपा खातीर, आमच्या वेवसायीक

भागीदारांक, पुरवणदारांक आनी तिसऱ्या पक्षांक योग्य सुरक्षा उपाय, जशी कंत्राटी अटी आनी प्रवेश निर्बंध चालीक लावपाक आमी मागतात.

IBM कृत्रिम बुध्दीमत्तेचे मॉडेल आनी यंत्रणा उपलब्द करून दितात, तातूंत व्हड भाशेचे मॉडेल (जांकां LLM म्हणटात) हांचो आस्पाव आसा. IBM हे असले AI मॉडेल आनी यंत्रणाचो वापर IBM.com गुणधर्माचेर वा एम्बेड करूं येता, तातूंत चॅटबॉट आसपावीत आसा. खेरीत IBM वेगळ्या अटी खाला असलें AI मॉडेल आनी यंत्रणां उपलब्द करूंक शकता.

IBM चे AI मॉडेल आनी यंत्रणां तांची रचणूक, प्रशिक्षण, मान्यताय आनी तपासणी हि सार्वजनीक उपलब्द जाल्ल्या डेटांतल्यान घेतलां तातूंत घडये प्रसंगवश खाजगी म्हायती आसूं शकता. संबदीत परिणाम कमी करपाक आनी विस्वासांत घेवपा सारके AI ची जबाबदारी आनी विकास उपयोजनाचेर उपाय काडपाक मदत करपाक आमी सुरक्षा, प्रक्रिया, आनी उपकरणां चालीक लायल्यात.

आमी फकत वैयक्तीक माहिती ज्या उद्देशां खातीर प्रक्रिया केल्या ते उद्देश पुराय करपाक, वा कायदेशीर आनी नियामक धारणा गरजांक पाळो दिवपाक गरजे प्रमाण तिगोवन दवरतात. कायदेशीर आनी नियामक धारणा गरजां खातीर माहिती सांबाळपाचो आसपाव आसूं येता:

– लेखापरीक्षण आनी लेखा हेतू,
– वैधानीक धारणांच्यो अटी,
– वाद हाताळप,
– आनी आमी ज्या देशांनी वेवसाय करतात थंय कायदेशीर दावे स्थापन करप, वापरप वा राखण करप.

प्रशासकीय उद्देशां खातीर, कायदेशीर आनी नियामक धारणांच्या गरजां खातीर, आयबीएम हक्कांची राखण करपा खातीर आनी तुमचे कडेन आयबीएमाच्या संबंदाचें वेवस्थापन करपा खातीर आमी खंयचीय कंत्राटी संबंदाची माहिती सांबाळटात. पूरक गुप्तताय सुचोवणेंत दिल्ले माहितीक लागू आशिल्ल्या धारणां अटीं विशीं चड सविस्तर माहिती दिवंक शकता.

जेन्ना वैयक्तीक माहितीची आतां गरज ना, तेन्ना ती सुरक्षीतपणान काडून उडोवपाची प्रक्रिया आमचे कडेन आसता, देखीक इलॅक्ट्रॉनीक फायली मिटोवन आनी भौतिक रेकॉर्ड काडून.

# तुमचे हक्क

तुमची वैयक्तीक म्हायती हाताळपाची गजाल येता तेन्ना तुमकां कांय हक्क आसात.

आमकां संपर्क करात फॉर्म वापरपाक शकता:

- ह्या गुप्तताय विधान आनी गुप्तताय पद्धतीं संबंदीत प्रस्न विचारात. तुमचो संदेश आयबीएमाच्या माहिती गुप्तताय पंगडाच्या योग्य वांगड्याक धाडटात, तातूंत जापसालदार माहिती संरक्षण अधिकारी आसपावीत आसात.
- आयबीएम तुमची वैयक्तीक माहिती कशी प्रक्रिया करता हाचेर तुमकां समाधान ना जाल्यार आयबीएमा कडेन कागाळ सादर करची.

एक डेटा अधिकार विनंती फॉर्म सब्मीट करपाक वापरपाक शकता:

- आमचे कडेन आशिल्ली तुमची वैयक्तीक माहिती मेळोवपाची विनंती करची, वा ती अद्ययावत वा दुरुस्त करची. लागू आशिल्ल्या कायद्याचेर आदारून, तुमच्या वैयक्तीक माहिती संबंदीत तुमकां अतिरिक्त हक्क आसूं येतात.
- तुमची वैयक्तीक माहिती वापरपाक योग्य स्वरूपांत मेळोवपाची विनंती करप आनी ती दुसऱ्या पक्षाक प्रसारीत करप (हाका डेटा पोर्टेबिलिटीचो हक्क अशें म्हण्टात);
- विशीं आमी दवरतात ती वैयक्तीक माहिती काडून उडोवपाची विनंती करप;
- विशिश्ट वैयक्तीक माहिती प्रक्रिया प्रकारांतल्यान भायर सरप, जशे की लक्ष्य केल्ली जायरात

माहिती हक्क विनंती तपशील

तुमी जेन्ना माहिती हक्क (DR) विनंती सादर करतात, तेन्ना तुमी आमकां तुमचें नांव आनी संपर्क तपशील सयत वैयक्तीक माहिती दितात, जी आमी तुमचे मागणेक जाप दिवंक वापरतात. कांय परिस्थितींत, तुमची वळख सत्यापीत करपाक आनी आमी वैयक्तीक माहिती योग्य व्यक्तीक उक्ती करतात हाची खात्री करपाक, आमी तुमच्या फोटो आयडीची प्रतय मागूं येता, जी तुमची वळख सत्यापीत केल्या उपरांत रोखडीच काडून उडयतात.

तुमच्या DR विनंतीचेर, तुमची वैयक्तीक माहिती तुमची DR विनंती हाताळपा खातीर आनी पुराय करपा खातीर प्रक्रिया जाता, DR संबंदीत आयबीएम च्या कायदेशीर बंधनां आनी वचनबद्धताय प्रमाण.

तुमी सादर केल्ल्या विनंतींची स्थिती तुमी विनंती पुराय जाले उपरांत 90 दिसां खातीर [illegible] DR [illegible] तपासपाक शकतात. तुमचे DR मागणे संबंदीत माहिती तुमच्या आयबीएमा कडेन निमाण्या DR संबंदीत [illegible] तारखे सावन उण्यांत उणें तीन वर्सां खातीर दवरतात, ताचे संबंदी तुमकां आसूं येता अशी खंयचीय विनंती संबोधीत करपाक, आनी IBM च्या पालन आनी रेकॉर्डिंग उद्देशां खातीर.

परिचय
आमी वैयक्तीक माहिती कशी एकठांय करतात आनी वापरतात
वैयक्तीक माहिती वांटप
नियंत्रक आनी प्रतिनिधी माहिती
माहिती सुरक्षा आनी धारणा

आमी तुमची माहिती कशी प्रक्रिया करतात हाचे विशीं चड माहिती खातीर, आमी एकठांय करतात आनी वापरतात ती [वैयक्तीक माहिती पळोवची](#).

तुमचे हक्क
कायदेशीर आदार
गुप्तताय विधान अद्ययावत

आमी तुमची माहिती कशी प्रक्रिया करतात हाचे विशीं चड माहिती खातीर, आमी एकठांय करतात आनी वापरतात ती [वैयक्तीक माहिती पळोवची.](#) तुमचे हक्क लागू आशिल्ल्या कायद्यांक लागून जावपी मर्यादा आनी आडवादाचेर आदारीत आसूं येतात. देखीक, तुमी सोदतात ती कांय माहिती आमी वांटून घेवंक शकनात अशी परिस्थिती आसूं येता, हें दाखोवप म्हणल्यार हेरां विशीं माहिती दाखोवप.

तुमकां सक्षम देखरेख प्राधिकरणाक कागाळ करपाचोय अधिकार आसूं येता. अतिरिक्त हक्कां विशीं माहिती, ते केन्ना लागू जातात, आनी सक्षम देखरेख प्राधिकरणाक कागाळ करपाचो अधिकार [हांगा](#) मेळूं येता.

तुमकां सुटावो जावंक नाशिल्लो गुप्तताय वा माहिती वापराचो हुस्को आसल्यार जो आमी समाधानकारक रितीन संबोधीत करूंक ना, उपकार करून आमच्या यू.एस.-आदारीत तिसऱ्या पक्षाच्या वाद निवारण पुरवणदाराक (फुकट) [हांगासं](#) संपर्क सादचो.

तुमचीं बाजारणी संचारण पसंती सेट करपाक वा अद्ययावत करपाक, आयबीएम [Privacy Preference Center](#) भेट दिवची. तुमी [ऑप्ट-आउट मागणी दाखल करूंक शकतात,](#) वा दर एके बाजारणी ईमेलीचे अखेरेक वर्गणी काडची वेंचूं येता.

---

# कायदेशीर आदार

कांय न्यायालयांनी, वैयक्तीक माहिती कायदेशीर रितीन हाताळप हें एक समर्थनाक आदारीत आसता, जाका केन्ना-केन्नाय कायदेशीर आदार अशें म्हणटात. तुमची वैयक्तीक माहिती कायदेशीर रितीन हाताळपा खातीर आमी ज्या कायदेशीर आदाराचेर आदारून आसात ते उद्देश आनी लागू आशिल्ल्या कायद्या प्रमाणें बदलतात. आमी घडये वापरूंक शकतात ते वेग-वेगळे कायदेशीर आदार अशे आसात:

---

तुमचे कडेन केल्लो करार करपा खातीर गरजेचें

आमचीं कर्तव्यां पाळूंक वा तुमचे कडेन आमचो [कराराचो संबंद](#) वेवस्थापन करूंक जेन्ना तुमचो संपर्क तपशील, फारीकणी तपशील, आनी शिपमॅण्ट तपशील अशी कांय वैयक्तीक माहिती आमी प्रक्रमण करपाची गरज आसता तेन्ना आमी ह्या कायदेशीर आदाराचेर आदारून आसतात.

देखीक:

- तुमचो उत्पाद वा सेवा खरेदी करपाचो हेतू आसल्यार, तुमचे कडेन करार करूंक तुमची वेवसाय संपर्क माहिती आमकां जाय वा खरेदी केल्ले उत्पाद ऑनलायन एक्सॅस करूंक तुमकां घडये IBMid निर्माण करपाची गरज पडूं येता (तुमचो प्रोफायल पळोवचो)
- संपर्क पुराय करतना, तुमकां घडये सहाय्य सेवा मेळोवपाची गरज पडूं येता, जाचे खातीर आमकां तुमची संपर्क माहिती एकठांय करची पडटली.
- नोकरी अर्जदारांचेर विचार करूंक वा निवृत्ती वेतनधारकांचें पॅन्शन हक्क वेवस्थापन करूंक आमकां वैयक्तीक माहितीची गरज आसा (भरती आनी आदले कर्मचारी पळोवचे).

IBM च्या वा तिसऱ्या पक्षाच्या कायदेशीर हिताच्या उद्देशां खातीर गरजेचें

कायदेशीर हितसंबंद वेवसाय चलोवंक आनी संघटीत करूंक शकपा कडेन संबंदीत आसात, जातूंत आमच्या ऑफरींची बाजारणी, आमच्या कायदेशीर हित संबंदांची संरक्षण करप, आमची आयटी भोंवतण सुरक्षीत करप वा ग्राहकांची गरज भागोवप हांचो आसपाव जाता.
देखीक:

- तुमचो वापर, आनी आमचे वॅबसायटींचो संवाद सुदारूंक आमी कॅप्चर करतात.
- आमच्या सेवांचो एक्सॅस अधिकृततायेन वेवस्थापन करूंक तुमचे IBMid (तुमचें खातें पळोवचें) आमी प्रक्रमण करतात.
- तुमी जंय काम करतात ते संघटणे कडेन आमचो कंत्राटी संबंद आसा, थंय हो करार वेवस्थापन करूंक वापरिल्ली तुमची वैयक्तीक माहिती प्रक्रमण करूंक आमकां कायदेशीर हित संबंद आसा.
- तुमचे कडेन आमचो संवाद सादूंक आनी आमचे उत्पाद आनी सेवांचो प्रचार करूंक तुमची वेवसाय संपर्क माहिती आमी (तुमचें खातें पळोवचें) हेर वेवसाय-संबंदीत माहिती वांगडा प्रक्रमण करतात. तुमी हाजीर आशिल्ल्या IBM कार्यावळींच्या तपशिलां वांगडा तुमची संपर्क माहिती आमी बाजारणी आनी वेवसाय बुद्धिमत्ता विकसीत करूंक प्रक्रमण करूंक शकतात.
- आमी योग्य प्रतिभेचो सोद घेवपा खातीर आमच्या कायदेशीर हितसंबंदाचेर आदारीत अर्जदारांची वैयक्तीक माहिती प्रक्रमण करतात (भरती आनी आदले कर्मचारी पळोवचे).
- आमची सामान्य वेवसायीक कार्यावळी कार्यक्षम दवरची पडटली. हे खातीर आमी, देखीक, आमची आयटी यंत्रणा आनी नॅटवर्कांची लॉगीन माहिती, वा सुरक्षा आनी सुरक्षेच्या उद्देशां खातीर IBM सुवातींनी सीसीटीव्ही फुटेज प्रक्रमण करूंक शकतात.

न्यायालयीन, प्रशासकीय वा लवाद कार्यवाहींत आमच्या अधिकारांचो बचाव करूंक गरजेचे सुवातेर आमी वैयक्तीक माहितीचेरूय प्रक्रमण करूंक

शकतात. तशेंच ज्या देशांनी ते वेगळो कायदेशीर आदार नाशिल्ल्या देशांतल्या कायदेशीर हित संबंदाच्या कायदेशीर आदारांत येता.

आमी घट संरक्षणा खातीर वैयक्तीक माहिती प्रक्रमण करतात, जो ब्राझिल कायद्या खाला (LGPD) विशिश्ट कायदेशीर आदार आसा.पूण हेर देशांतल्या कायदेशीर हित संबंदाच्या कायदेशीर आदारांनूय आसपावता.

संमती

आमी [illegible] आदारीत आसा. देखीक:

– कुकीज एण्ड सिमिलर टॅक्नॉलॉजी वा बाजारणी वस्तंची ईमेलींची पर्यायी वापर.

कायदेशीर बंधन

आमकां जंय आमच्या कायदेशीर बंधनाचेर आदारीत कांय वैयक्तीक माहिती प्रक्रमण करपाची गरज आसा. देखीक:

– कांय वेव्हारां खातीर, जशें अर्थीक वेव्हारा खातीर (कंत्राटी संबंद पळोवचे) सरकारान जारी केल्ल्यो आयडी मागपाचें आमकां बंधन आसूं येता.

# गुप्तताय विधान अद्यावत

ह्या गुप्तताय विधानांत भौतीक बदल केल्यार, प्रभावी तारीख सुदारतात, आनी अद्यावत गुप्तताय विधानाचेर 30 दिसां खातीर कळोवणी घालतात. पुनरावलोकन प्रभावी जाल्या उपरांत आमच्यो वॅबसायटी आनी सेवा वापरीत रावल्यार, वापरप्यांनी बदल वाचल्यात आनी समजल्यात अशें मानतात.

गुप्तताय विधानाच्यो आदल्यो आवृत्ती हांगा उपलब्ध आसात.

**ह्या प्रकाशनांत अद्यावत केल्ले विभाग:**

1. Your Additional Rights: Brazil
2. Your Additional Rights: Israel
3. Your Additional Rights: US States

हे भाशेंत IBM गुप्तताय विधानाचे अचूकतायेन अणकारपाक आमी आमचे सगळ्यांत बरे यत्न केल्यात. खंयच्याय अणकाराच्या हुस्क्याची म्हायती दिवपाक, ह्या पानाच्या शीर्षकांतआमकां संपर्क करात वेंचात.

## हेर लिंक्सां

- तुमचे अतिरिक्त अधिकार →
- एक डेटा अधिकार विनंती फॉर्म सब्मीट करात →
- कॅलिफोर्निया पूरक गुप्तताय विधान →
- अभिप्रमाणीत आयबीएम Cloud सेवे खातीर आयबीएमाचो डेटा गुप्तताय आराखडो धोरण →
- आयबीएम नियंत्रक बंधनकारक कॉर्पोरेट नेम →
- आयबीएम विश्वास केंद्र →

TRUSTe Certified Privacy Powered by TrustArc

TRUSTe APEC Privacy Powered by TrustArc